गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय

पत्रक

**भलायकी हेल्पलायन-104 चो शुभारंभ**

ता. 23 नोव्हेंबर 2018
2 मार्गशीर्ष 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी आयज बांबोळे गोंय वैजकीय महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल प्रकल्पातल्या जीव्हीके कार्यालयात टोल फ्री भलायकी हेल्पलायन-104 चो शुभारंभ केलो. भलायकी सेवा संचालनालयालन जीव्हीके इर्मजन्सी मॅनेजमेंट अँण्ड रिसर्च इन्स्टीटयूटच्या सहकार्यान भलायकी हेल्पलायन-104 सुरू केल्या. राज्यातली खंयचीय व्यक्ती 104 नंबर डायल करून गोंय सरकारच्या भलायकी संबंदीत येवजणो आनी सुविधांची म्हायती मेळोवक शकता.

अतिरिक्त भलायकी सचिव श्री. सुनिल मसूरकर, भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक, वैजकीय अधिक्षक डॉ. शिवानंद बांदेकर, जीव्हीके इएमआरआय च्यो मुखेली श्रीमती पुर्ती पाटकर आनी हेर अधिकारी हया वेळार हजर आशिल्ले.

हया हेल्पलायन सेवेक लागून लोकांक भलायकी खात्याच्यो येवजणो. रक्तपेढी, फार्मासी आनी हेर भलायकी सुविधांची माहिती मेळपाक मदत जातली. ही सेवा 24 वरां चालू आसतली आनी जिल्हो हॉस्पिटलां आनी भलायकी केंद्रांकडेन जोडिल्ली आसा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1757